गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>खण कामगारांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर येवजण सुरू करतले-श्री. पाऊसकार</u>**

ता. 16 ऑगस्ट 2019

राज्यातलो खण वेवसाय बंद पडिल्ल्यान बेकार जाल्ल्या खण कामगारांक म्हयन्याक पाच हजार रूपयां आर्थिक मजत दिवपा खातीर सरकारान मदत येवजण परती सुरू करपाचो निर्णय घेतला आनी ही येवजण खण वेवसाय सुरू जाय मेरेन चालू उरतली, अशें भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिपक पाऊसकार हांणी धारबांदोडा तालुका पातळीचेर आयोजीत स्वातंत्रताय दीस सुवाळ्यात उलयतना सांगलें.

सुरवेक श्री. पाऊसकार हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी केली.

धारबांदोडा तालुक्यातलो खण वेवसाय, संजीवनी साखर कारखानो आनी हेर उद्देगांतल्या कामगारांचे प्रस्न सोडोवपा वांगडाच तालुक्यातल्या आल्वारा, कुमेरी, कुळ-मुंडकार, आफ्रामेंत आनी खाजगी रानां जमनीचोय प्रस्न सोडोवपाक सरकाराचे प्रयत्न चालू आशिल्ल्याचे श्री. पाऊसकार हांणी सांगलें.

स्वातंत्रताय दीस सुवाळ्यात धारबांदोडा वाठारांतल्या विंगड विंगड शाळांतल्या भुरग्यांनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

उपजिल्होधिकारी श्री. प्रदीप नाईक, मामलेदार श्री. अभिर हेदे, साकोर्डा पंचायतीचे सरपंच श्री. जितेंद्र नाईक, पंच वागडी श्री.रमाकांत गांवकार, हेर मानेस्त, नागरीक आनी विद्यार्थी सुवाळ्याक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/502

-

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA